आकाशवाणी पणजीच्या

Date :06/04/2026 प्रादेशिक खबरो 7.20 pm

मुखेल खबरो

भारतीय जनता पक्ष आयज आपलो 47वो स्थापणूक दीस मनयता. हेनिमतन मूखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हाणी पक्षाच्या कार्यकर्त्यांक शुभेच्छा दिल्यात.

फोणे पोटवेचणूके निमतान दक्षीण गोंय जिल्लोधिकाऱ्या वरवीं विवीध निर्बंधांचे आदेश जारी जाल्या.

सेंसस प्रशिक्षणाचो दुसरो पांवडो आयज सावन सुरु जालो.

अस्तंत आशियांतल्या संघर्श परिस्थितीत लेगीत देशांत अन्नधान्यांचो फावो तो सांठो आसा अशें सरकारान सांगलां.

---------

जावडेकर-160

भारतीय जनता पक्ष आयज आपलो 47वो स्थापणूक दीस मनयता. हेनिमतन प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी, घरमंत्री अमित शाह भाजपाचे अध्यक्ष नितीन नबीन मूखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत आनी हेर वरिश्ठ फुडाऱ्यांनी पक्षाच्या कार्यकर्त्यांक परबी दिल्यात.

राष्ट्र प्रथम ह्या तत्वांतल्यान प्रेरीत जावन समाजसेवेंखातीर हो पक्ष सदांच मुखार आसा अशे सोशल मिडिया पोस्टात प्रधानमंत्र्यांनी म्हणला. आपले समर्पण आनी वचनबद्धतायेन पक्षाक घटमूट केल्ल्या सगळया कार्यकर्त्यांक हांव काळजा सावन परबीं दितां अशे मुखेलमंत्री डॉ प्रमोद सावंत हाणी सांगला.

सेवा, सुशासन आनी गरीबांचें कल्याण ह्या आदर्शांनी मार्गदर्शन करून हो पक्ष घटमूट, आत्मनिर्भर आनी विकसीत भारताच्या सपनाचे दिकेन निश्ठन वावुरता अशे म्हणत तांच्यानी राश्ट्र पयली, उपरान पक्ष आनी ताचे फाटल्यान हांव हो संदेश भाजपाचो ध्वज दिता, अशे सांगले.

भाजप स्थापना दिसा उपरान मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी साखळे हांगा आपल्या घरावैर भाजपाचो ध्वज उबयलो.

राज्यात आयज भाजपाचो स्थापना दीस मनयलो गेलो. मंत्री तशेच आमदारांनी आपले घराचेर भाजपाचो ध्वज उबयलो. पणजे भाजप कार्यालया मुखार भाजप प्रदेशाध्यक्ष दामू नायक हांणी ध्वज उबयलो.

पक्षाच्या सगळया कार्यालयानी भाजपाचो ध्वज उबोवन स्थापणूक दिस मनयलो.

सुशांत-162

फोंडें विधानसभा मतदारसंघाच्या पोटवेंचणुके खातीर दक्षीण गोंयच्या जिल्लोधिकारी एग्ना क्लिटस हांणी विवीध निर्बंधां विशीं आदेश जारी केला. ९ एप्रिलाक जावपी मतदानाचे फाटभूंयेर ७ एप्रिलाक सांजेवेळार ६ वरां पसून मतदारसंघांत फुडलीं ४८ वरां रॅली, सभा घेवपा वांगडा सोरो विकपाचेर बंदी आसतली.

वेंचणूक प्रक्रिया निश्पक्ष आनी शांतिकायेन जावपा खातीर जिल्लो प्रशासन तयार आसा. कायदो आनी सुवेवस्था राखपा खातीर ७ एप्रिलाक सांजेवेळार ६ वरां मेरेन ही मतदान प्रक्रिया सोंप मेरेन कसलेय तरेच्यो जाहीर सभा, मिरवणुको, कोणसो सभा वा रॅली काडपाक खर बंदी घाल्या. ह्या ४८ वरांच्या काळांत वेंचणूक प्रचारा खातीर लावडस्पीकराचो वापर करपाक पुरायेन बंदी घाल्या.

तशेंच, ७ एप्रिलाक सांजेवेळार ६ वरांच्यान ते ९ एप्रिलाक मतदान सोंपसर सगली सोरो विकपाचीं दुकानां, बार आनी रेस्टॉरंटां बंद आसतलीं. मतमेजणी दिसा म्हळयार ४ मेकूय 'ड्राय डे' पाळटले. मतदान केंद्रांच्या १०० मीटर वाठारांत पांच वा ताचे परस चड जाणांनी एकठांय येवपाक बंदी आसतली. फकत मतदाना खातीर रांकेंत उबें रावपी मतदारांकूच ह्या वाठारांत परवानगी दितले. रोख रक्कम, भेटवस्तू वा सोरो वाटप आडावपा खातीर पुलीस दळा वतीन वाहनांची खर तपासणी करतले.

दक्षीण गोंय पुलीस अधीक्षक आनी फोंडें उपविभागीय पुलीस अधिकाऱ्यांक ह्या आदेशाची खर अंमलबजावणी करपाचे निर्देश दिल्यात. नेम मोडप्यांचेर खर कायदेशीर कारवाय करतले. मतदान प्रक्रिया शांतीकायेन जावचे खातीर सगले उमेदवार, राजकीय पक्ष आनी नागरिकांनी वेंचणूक आयोगाचे नेम पाळचे, असो उजो जिल्लोधिकाऱ्यांनी मारलो.

जाण 90

सेंसस प्रशिक्षणाचो दुसरो पांवडो आयज सावन सुरु जालो. दक्षीण आनी कुशावती जिल्ह्यांखातीर प्रगणक आनी पर्यवेक्षकांचे ३ दिसांचे प्रशिक्षण फोंडा, मडगांव आनी केपे अशा तीन सुवातांनी चालू जाले.

हे प्रशिक्षित प्रगणक  आनी पर्यवेक्षक १६ एप्रिल सावन घरांघरांनी वचून म्हायती घेतले. सेंसस २०२७ दोन पांवड्यांनी जातले. पयल्या पांवड्यार घरांची नोंदणी आनी घरांत रावपी मनशांचो आंकडो एकठांय करतले.

दुसरो पांवडो फेब्रुवारी २०२७ सावन सुरु जातलो आनी १५ दिसांभितर सोंपतलो. लोकांनी आता १५ एप्रिल मेरेन se.census.gov.in ह्या पोर्टलाचेर वचून स्वतःची माहिती भरुं येता. चडान चड लोकांनी ही म्हायती भरची अशें आवाहन जनगणना खात्यान केलां.

प्रसाद 180

फोंडा पोटवेंचणुक- 211

फोंडाचे पोटवेंचणुकेंत भाजपान प्रचारांत फुडाकार घेतला आनी सगळया पांवड्यार प्रचाराचेर भर दिला. फाटल्या सप्तका सावन मुखेलमंत्री, राज्य अध्यक्ष, मंत्रीमंडळांतले चडशे मंत्री,  आमदार आनी हेर फुडारी कोपरा बसका आनीभोशिक बसका घेतात. तशेंच वेगवेगळया पंगडांच्या बसकांचेरूय भर दिला.
दुसरे वटेन काँग्रेस पक्षाचे प्रभारी, राज्य अध्यक्ष आनी राज्यांतल्या फुडयऱ्यांनी प्रचारावेळार बसका घेवपा परस मतदारांक मेळपाचेर चड लक्ष केंद्रीत केलां. 9 एप्रीलाक जावपी हे वेंचणुकेंत भाजपांतले रितेश रवी नायक, काँग्रेसीचे डॉ. केतन भाटकार आनी आपचे गीतेश नाईक उमेदवार म्हणून उभे आसात.

दर दिसा उणेच दोन भाजपाचे मंत्री प्रचारांत वांटो घेतात. युवा मोर्चा सयत बायलां कार्यकर्ते वेगवेगळया पांवड्यार प्रचारांत वांटो घेतात. फोंडा नगरपालिका आनी कुर्टी पंचायत वाठारांत दर दिसा उणेच दोन मंत्री वेगवेगळया वाठारांनी प्रचार करतना दिसतात. इतलेंच न्हय तर वेगवेगळया गटांचीं मतां मेळोवपा खातीर मुखेलमंत्री आनी हेर फुडाऱ्यांच्यो बसकाय पुरायपणान सुरू आसात.

काँग्रेस भौशीक बसका, मेळावे, कोनशाक बसका घेवपाचेर लक्ष केंद्रीत करता काँग्रेसीचो उमेदवार डॉ. केतन भाटीकर हाणी काँग्रेसीन भौशीक बसका टाळून शक्य आसल्यार मतदारांक मेळप आनी कोनशाक बसका घेवपाचेर लक्ष केंद्रीत केलां.

आम आदमी पक्षा  कडल्यान दारांतल्यान दारांत प्रचार, केंद्रीय फुडारी अरविंद केजरीवाल हांचीं भौशीक बसका सोडल्यार आप उमेदवार गितेश नायक हांच्या कोनशाच्या बसकांनी थोड्या प्रमाणात भर दिल्या. दारांतल्यान दारांत वचून मतदारांक मेळपाचेर तांणी चड लक्ष केंद्रीत केलां.  राज्य अध्यक्ष वाल्मीकी नायक आनी संदेश तालेकार देसाय हांचे वांगडा पक्षाचे कार्यकर्ते काम करताना दीष्टी पडतात.

## कवळे शाळा समूह- 140

कवळे शाळा समूहाचो इनामां वांटप आनी अभिनंदन सुवाळो हालींच कवळे पंचायत सभाघरांत जालो. इंदिराबाई ढवळीकार हायस्कुलाची प्राचार्य सुषमा देसाय आनी सरस्वती मुळाव्या शाळेची प्राचार्य माधवी कपिलेश्वरकार हांकां निवृत्तीवेळार परबीं दिली.

ह्या वेळार शिरीश कुमार अमशेकरान सुषमा देसाय आनी माधवी कपिलेश्वरकाराक शाल, श्रिफाल आनी यादस्तीक दिवन भोवमान केलो. शाळेच्या जिणेंत खेळ आनी अभ्यासाचो योग्य मेळ आसत जाल्यार भुरग्यांच्या व्यक्तिमत्वाची उदरगत योग्य रितीन जावंक शकता अशें शिरीश कुमार अमशेकर हांणी सांगलें.

## अस्तंत आशियांतल्या संघर्श- 154

अस्तंत आशियांतल्या संघर्श परिस्थितीत लेगीत देशांत अन्नधान्यांचो फावो तो सांठो आसा अशें सरकारान सांगले . नवी दिल्लींत आंतर मंत्रालयीन बसकेंत उलोवप करतना गिरायक वेव्हार खात्याचे अतिरिक्त सचीव अनुपम मिश्रा हांणी सांगलें कि गरजेच्या वस्तूंचे मोल स्थिर आसा . देशांत दाळांचें उत्पादन फाटल्या वर्सा परस चड आसा तशेंच वस्तूंचे दर आनी पुरवण हांचेर सरकार बारीकसाणेन नदर दवरता अशें ताणी सांगलें.

अन्न आनी भौशीक वितरण खात्याचे संयुक्त सचीव सी.शिखा हांणी सांगलें की देशांत गंव आनी तांदूळ दोनूय प्रकारांचो फावो तो 'बफर स्टॉक' (रिझर्व्ह स्टॉक) आसा. देशांत सुमार 602 लाख मेट्रीक टन अन्नधान्य उपलब्ध आसा अशी म्हायती तांणी दिली. संवसारीक अनिश्चितताय आसून लेगीत खावपाच्या तेलांची घरगुती उपलब्धताय स्थीर आसा अशें तांणी स्पश्ट केलें.

मजगती केंद्र सरकारान अस्तंत आशियांतल्या संघर्शाक लागून संवसारीक कच्च्या तेलाच्या पुरवणत आडमेळी आयिल्ल्याच्या फाटभूयेर 30 जून मेरेन गरजेच्या वट्ट चाळीस पेट्रोकेमिकल उत्पादनांचेर शीम शुल्क रद्द केलां. हाका लागून संबंदीत क्षेत्रांचेर खर्चाचो दबाव उणो जातलो, पुरवण स्थीर जातली आनी गिरायकांक थाकाय मेळटली अशें वित्तमंत्रालयान सांगलां.

## नुस्तें उत्पादन-68

फाटल्या धा वर्सांत देशांतलें नुस्तें उत्पादन दुपेटीन वाडलां,ताका लागून भारताक दर्यां उत्पादनां मळार संवसारांत दुसरी सुवात मेळ्ळा. सरकाराच्या म्हणण्या प्रमाण 2014-15 वर्सा सावन चालीक लायिल्ल्या नुस्तेमारी संबंदीत येवजण्यांनी 74 लाखां वयर प्रत्यक्ष आनी अप्रत्यक्ष रोजगार संदी निर्माण जाल्यात. संवसारीक नुस्त्याच्या उत्पादनांत भारताचो वाटो सुमार आठ टक्के आसा. केंद्रीय अर्थसंकल्पत हे खातीर

वर्सुकी 2 हजार ,761 कोटी रुपयां मंजूर केल्या, जाका लागून देशांतल्या नुस्त्याच्या उत्पादनाक चालना मेळटली असो अदमास आसा.

हवामान- 62

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण आयज पणजेत चडात चड तापमान31.1 औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे २४.1औंश सेल्सिअस नोंद जाला. तशेच मुरगावात चडात चड तापमान ३3औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे २3.8 औंश सेल्सिअस नोंद जाला .

मजगती फुडल्या दोन दिसांनी अरब दर्याक लागीं आशिल्ल्या दर्या वाठारांनी 45ते -55 किमी.वेगान वारे व्हाव्तले देखून
ह्या काळांत नुस्तेमारांनी खोल दर्यात वच्चे न्ही अशी शिट्कावणी खात्यान दिल्या.

खेळ – 21

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत आयज सांजवेळा 7:30 वरांचेर कोलकाताच्या
ईडन गार्डन्स मैदानार कोलकाता नाइट रायडर्स आनी पंजाब किंग्स पांगडा मदी खेळ जातलो.